# मुख्यमंत्र्यांकडल्यान गोंय क्रांती दिसाची परबीं

ता. 17 जून 2024

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी गोंय क्रांती दिसाच्या इतिहासीक प्रसंगार गोंयच्या जनतेक परबीं दिल्या. लोकांक दिल्ल्या आपल्या संदेशात 18 जून 1946 ह्या इतिहासीक दिसाचो उगडास करून मुख्यमंत्री म्हणटा, ह्याच दिसा ब्रिटीश सत्तेआड शौर्यान झुजलेले राष्ट्रवादी फुडारी आनी स्वातंत्र्य सैनिक डॉ. राम मनोहर लोहिया गोंयांत आयले आनी गोंयच्या लोकांक पोर्तुगीजांच्या सत्तेआड लडपाचो उलो मारलो. तांणी आपल्या भाशणातल्यान मारिल्ल्या उल्यान गोंयकारांच्या काळजात गोंय मुक्तिखातीर झगडपाची कीट पेटली.

डॉ. ज्युलियो मिनेझिस आनी हेर म्हान फुडाऱ्यांनी डॉ. राम मनोहर लोहिया हांकां गोंयांत येवपाक आनी मडगांवा आताच्या लोहिया मैदानावयल्यान गोंयच्या लोकांच्या जमावांमुखार भाशण करपाक मजत केली. तांच्या भाशणातल्यान स्फुर्त घेवन 1946 वर्सा ह्याच दिसा गोंयकारांनी पोर्तुगिजांच्या परकीय राजवटीकडल्यान आपल्याचेर जावपी अत्याचारांविरूध्द उकतेपणी बंड सुरू केले. हजारांनी गोंयकार एकटाय येवन हुकूमशाय राजवटीक विरोध केलो आनी निमाणे 19 डिसेंबर 1961 दिसा 450 वर्सांच्या पोर्तुगीज राजवटीतल्यान गोंय मुक्त जालें.

आयच्या ह्या प्रसंगार गोंय मुक्ती खातीर आपल्या जीणेचो त्याग केल्ल्या सगळ्यां हुतात्म्यांचो आनी स्वातंत्र्य सैनिकांचो उगडास करून तांकां आमी नमन करूया आनी विकसीत भारत, विकसीत गोंयांखातीर स्वता समर्पित जावया, अशें मुख्यमंत्री आपल्या संदेशात निमाणे म्हणटा.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2024/268

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.